**दिव्यांग व्यक्तींखातीर समान संद धोरण अधिसूचीत करपाची सक्ती**

25 ऑक्टोबर 2023

दिव्यांग व्यक्तीं हक्क अधिनियम 2016 प्रमाण प्रत्येक आस्थापनान कायद्यातल्या तरतुदींक अनुसरून प्रस्तावित उपाय येवजणांविशीं तपशीलवार समान संद धोरण सूचित करून ह्या धोरणाची प्रत राज्य आयुक्तांकडेन नोंद करपाची गरज आसा. तशेंच आस्थापनांनी समान संद धोरण आपल्या वेबसायटीचेर प्रदर्शित करपाक जाय, अशें समाज कल्याण संचालनालयान कळीत केला.

सरकारी आस्थापनां सयत वीस वा त्या परस चड कर्मचारी आशिल्ल्या खाजगी आस्थापनांनी समान संद धोरणा प्रमाण दिव्यांग व्यक्तींक आस्थापनांत तांची कर्तव्यां प्रभावीपणान पार पाडपाक मेळची हे खातीर आवश्यक सुविधा उपलब्ध करपाक जाय. तशेंच आस्थापनात दिव्यांग व्यक्तीं खातीरच्या विविध पदांची यादी आनी भरती तशेंच प्रशिक्षण, प्रोमोशन, बदली, नेमणूक, विशेश रजा, निवास वेवस्था आसल्यार वाटप करतना प्राधान्य दिवपा बाबतीत निकश थारावपाक जाय.

तशेंच आस्थापनांनी दिव्यांग व्यक्तींखातीर सहाय्यक उपकरणां, अडथळो मुक्त प्रवेशयोग्यता आनी हेर सुविधां उपलब्ध करप, दिव्यांग व्यक्तींच्या भरती खातीर आस्थापनां वतीन संपर्क अधिकारी नियुक्त करप, अशां सुविधांची तजवीज करप आवश्यक आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/834

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.